
# 6 भाजयांचें पोरसूं

0124CH06




रुमी आनी शामीन एकामेकांक शेतांतल्यान भाजयो काडपाक आदार केलो. दोगांयनी एक एक खोटलो घेवन भाजयो तोडल्यो. तांणीं दोगांयन कितल्यो भाजयो काडल्यो तें पळोवया.



रुमीलो खोटलो    शामीलो खोटलो    दोगांय कडेन आसात


1. 7 आनी 5 टमाटां मेळून 12 टमाटां जातात.

   7 + 5 = ______



2. एका खोटल्यान 9 गाजर आनी दुसऱ्या खोटल्यान 4 गाजर.

   9 + 4 = ______



3. एका खोटल्यान 8 मुळे आनी दुसऱ्या खोटल्यान 8 मुळे.

   8 + 8 = ______




## प्रकल्पाचें काम

खंयचीय एक भाजी तुमच्या पोरसांत, शाळेंत वा भोंवतणी लायात. तुमचे अणभव तुमच्या घरच्यां सयत उलयात आनी त्या रोयिल्ल्या रोपाची जतनाय घेयात. तुमी लायिल्ल्या रोपाचें चित्र काडपाक शकतात वा फोटो काडपाक शकतात.

© NCERT not to be republished


## आतां खेळया


*माळेचेर* 12 आनी 4
मणी  कशें जोडपाक
शकतात?



हांव पयलीं 12 मणी मोजता
आनी मागीर 4 मणी
मोजता. 13, 14, 15,16

## तुमी हे आंकडे *माळेचेर* कशें दाखोवपाक शकतात तें दाखयात.


13 + 4 =





14 + 5 =



6 + 8 =



5 + 7 =



## एकूण संख्या सोदून काडात.

| 1 | 2 | 3 | 4 | 5 | 6 | 7 | 8 | 9 | 10 | 11 | 12 | 13 | 14 | 15 | 16 | 17 | 18 | 19 | 20 |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|

8 + 5 = 13      5 + 3 = 8

13 + 3 = ___      ___ + ___ = 13

2 + 16 = ___      ___ + ___ = 10

4 + 12 = ___      ___ + ___ = 18

## तुमच्या परीन बेरीज करात.

1. सपना कडेन 12  आनी गौरी कडेन 6 रंगीत पेन्सिली आसात  . तांचे कडेन एकूण कितल्यो पेन्सिली आसात?

   सपनान 12 आनी 6 मोजले आनी ताका 18 मेळें.

   12 + 6 = 18




बेरीजाचें गणीत जाणून घेयात. भुरगीं 12 मेरेन कशीं मोजतात आनी मागीर 4 कशीं जोडटात? तांणीं वापरिल्ल्या पर्यायांचेर भासाभास करात.



© NCERT not to be republished

गौरीन तें अशें केलें




$$12 \quad + 6$$
$$10 + \underbrace{2 + 6}$$
$$10 + \quad 8 = 18$$

तुमी हें वेगळे तरेन करपाक शकतात? उपेग करात आनी तुमच्या शिक्षकां कडेन भासाभास करात.

2. अमनाकडेन 8 आनी चरणजीताकडेन 6 *लाडू* हाडलें. सगळें मेळून कितलें *लाडू* आसात? ☐



3. शिना कडेन 12 कांकणां आसात. तांणे आनीक 6 कांकणां आपल्या भयणी कडल्यान मेळ्ळीं. ताचे कडेन आतां कितलीं कांकणां आसात? ☐




## आतां करया

तुमी पिकनीकेक कितें हाडपाक सोदतात? तुमच्या इश्टां कडेन भासाभास करात. तुमी ज्यो गजाली पिकनीकेक व्हरतले तांचें चित्र काडात आनी एकूण खाण पदार्थांचो आंकडो दिल्ल्या जाग्यांत बरयात.





© NCERT not to be republished

## वजाबाकी

आनीक कांय आंकड्यां सयत वजाबाकी करात.




15 – 9 = 6

| | | | |
|---|---|---|---|
| A. |  16 – 4 = ☐ | B. |  12 – 5 = ☐ |
| C. |  14 – 7 = ☐ | D. |  16 – 6 = ☐ |
| E. |  15 – 5 = ☐ | F. | 15 – 0 = ☐ |
| G. | 17 – 9 = ☐ | H. | 13 – 3 = ☐ |

© NCERT not to be republished

## लंगडी आनी उडी

अंजली आनी रेणू लंगडी आनी उडकी मारून खेळटात.






## आतां करुन पळोवया

एक आकड्यांची पट्टी खेळांमळार वा घरांकडेन करात आनी दिल्ल्या जाग्यार पावपाचे वेगवेगळे मार्ग सोदांत.

### बेरीज करात, वजाबाकी करात आनी जोडात

| | | |
|---|---|---|
| 8 + 7 | 12 | 15 – 3 |
| 9 + 9 | 15 | 18 – 1 |
| 10 + 2 | 14 | 17 – 2 |
| 16 + 1 | 17 | 18 – 0 |
| 11 + 3 | 18 | 16 – 2 |

अशेंच तरेचे प्रस्न तयार करात आनी आनी भुरग्यांक ह्या प्रस्नांच्यो जापो सोदपाक स्वताचे अशें पर्याय वेंचून काडपाक लावप.



© NCERT not to be republished

## कोड्यांच्यो काणयो

**तुमच्यो जापो कंसान बरयात.**

1. एका कुंभारा कडेन 9 *पणट्यो* आसात. तांणें 5 *पणट्यो* विकल्यो. उपरांत तांणें आनीक 7 *पणट्यो* तयार केल्यो. आतां ताचे कडेन कितल्यो *पणट्यो* आसात? ( )



2. पयल्या बसथांब्यार 6 भुरगीं बसींत बसतात. दुसऱ्यां बस थांब्यार आनी 8 भुरगीं चडटात. तिसऱ्या बसथांब्यार 7 भुरगीं देंवतात. तिसऱ्या थांब्यार कितलीं भुरगीं बशींत आसात? ( )




3. बशींत 18 जाणांक बसपाक मेळटा. जर 9 भुरगीं पयलींच बशिल्लीं आसात, आनीक कितलीं भुरगीं बशींत बसपाक शकतात? ( )
4. कुलजीताक ताच्या काशींत वा बॉक्सांत 14 चाकलेटीं मेळ्ळ्यो. तांणें कांय आपल्या इश्टां सयत वांटल्यो. ताचे कडेन 6 चाकलेटीं उरिल्ल्यो. तांणें कितल्यो चाकलेटीं आपल्या इश्टांक वांटल्यो? ( )
5. रमणाक 12 केळीं मेळ्ळीं आनी तातूंतलीं थोडीं खाल्लीं. ताचे कडेन 5 केळीं उरल्यांत. तांणें कितलीं केळीं खाल्लीं? ( )

© NCERT not to be republished